**स्पिडब्रेकर घालपाचो आदेश**

ता. 11 जानेवारी 2023

उत्तर गोंय जिल्हा न्यायदंडाधिकाऱ्यान सत्तरी म्हालातल्या डोंगुर्ली-ठाणे पंचायत क्षेत्रातल्या जांबळीकडे चोर्ला घाटावटेन वचपी रस्त्याचेर धाकू वरक हांच्या घरा लागी लायटीचो खांबो नं. 140 सावन 8 मिटर अंतराचेर एक आनी ठाणे वटेन वचपी रस्त्याचेर अशोक गावकर हांच्या घरा लागी लायटीचो खांबो नं. पी-73 लागी एक हम्प प्रकाराचो स्पिडब्रेकर घालून येरादारीक सुचोवणी दिवपी तकटे लावपाचो आदेश दिला.

तशेंच केरी पंचायत क्षेत्रातल्या दोनमाड ते शिरोली रस्त्याचेर बाहेरीलवाडो हांगा गोविंदराव राणे हांच्या घरा लागी एक आनी दोनमाड ते आजोबा देवळावटेनच्या रस्त्याचेर टी-जंक्शनार मुस्लिम समाज सभाघरालागी एक आनी मुळाव्या शाळेलागी एक हम्प प्रकाराचो स्पिडब्रेकर घालून येरादारीक सुचोवणी दिवपी तकटे लावपाचो आदेश दिला.

तशेंच वाळपय नगरपालिका वाठारात डॉ. हेडगेवार हायस्कुल जंक्शनार दोनीय वटेच्यान 15 मिटर अंतराचेर हम्प प्रकाराचे स्पिडब्रेकर घालून येरादारीक सुचोवणी दिवपी तकटे लावपाचो आदेश दिला.

म्हा /सप ऑपे / विगां/ 2023/50

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.